# सेंट. झेवियर फेस्तानिमतान येरादारीची वेवस्था

ता. 28 नाव्हेंबर 2017
7 मार्गशीष 1939

ओल्ड गोंयच्या सेंट फ्रांसिस झेवियर फेस्तानिमतान 25 नोव्हेंबर ते 4 डिसेंबर 2017 मेरेन येरादारीची खास वेवस्था केल्या. फेरी प्रवाशांखातीर रायबंदर मार्गान पणजी ते ओल्ड गोवा मेरेन खास बसी आसतल्यो. ह्यो बसी ओल्ड गोवा धेंपो इंजिनियरींगाकडेन पावतकीर पार्किंगाखातीर भाटीया प्रॉपर्टींत प्रवेश करतल्यो. दोनचाकी आनी चारचाकी गाड्यांकय भाटीया प्रॉपर्टींत पार्किंग वेवस्था आसतली. व्हीआयपी कार पास आशिल्ल्या वाहनांक फुडें जंक्शनामेरेन वचून व्हीआयपी पार्किंग जागेत वचपाक मेळटले.

दिव्यांग व्यक्तींक घेवन येवपी वाहनांक चर्च जक्शनमेरेन प्रवेश आसतलो आनी वाहनां ओल्ड गोवा पंचायतीलागीच्या सुलभ शौचालयामूखारच्या उक्त्या जागेत पार्क करपाक मेळटले. भाकीया प्रॉपर्टी आनी सुलभ शौचालयामूखार पार्क केल्ल्या वाहनांनी परतीच्या प्रवासाखातीर आयिल्ल्या मार्गानूच परते वचचें.

बाणस्तारी, फोंडे, माशेल वटेन वचपी सदच्या प्रवाशी बसीक रायबंदरमार्गाक प्रवेश आसचो ना. ह्या सगळ्यो बसी कदंब बायपासान वतल्यो.

कदंब पठारावयल्यान येवपी दोनचाकी आनी चारचाकी गाड्यांनी कामत गॅस स्टेशन जक्शनाकडल्यान डाव्यावटेच्यान टर्न घेवन सेंट. आगुस्तीन टॉवराकडेन परत डाव्यान घेवचे आनी हेबीटॅट जक्शनाकडेन पावतकीर उजव्यान घेवन भाकीया प्रॉपर्टींत पार्किंग करचें. सगळ्या अवजड आनी मध्यम वाहनांनी कदंब बायपासाचो वापर करचो.

सांतान चर्च ते कदंब बायपास रस्तो एकमार्गी आसतलो. ह्या रस्त्यार दोनी वटेच्यान मध्यम आनी अवजड वाहनांक प्रवेश आसचो ना.

शेनवार, आयतार आनी फेस्ताच्या दीसा अवजड आनी मध्यम मालवाहू वाहनांनी करासवाडा जक्शन, आमोणा पूल, बाणस्तारी जक्शन ह्या रस्त्याचो वाप करचो.

पिलार-ओल्ड गोवा रस्तो सगळ्यां तरेच्या वाहनांखातीर एकमार्गी आसतलो. ओल्ड गोंयच्यान नेवरा मार्गान वचपाक मेळचे नात. सगळ्या वाहनांनी एनएच-4 अ मेरशी रस्त्यान फुडे वचचे वा हलक्या वाहनानी सांतान चर्च मार्गाचो वापर करचो.

दक्षिण गोंयच्यान येवपी चारचाकी वाहनांक एला फार्म, गोरवां सांबाळ सेवा केंद्राकडेन पार्किंग आसतले. दुचाकी वाहनाक नेवरा जक्शनापयली खाजगी जागेत आनी बॉम जिजस

बासिलीका फाटल्यान पार्किंग आसतले. नेवराच्यान येवपी बसीखातीर कुंकळकर स्कुल मैदानाचेर पार्किंग आसतले. ह्या बसीनीं एनएच-4 अ वयल्यान परतीचो प्रवास करचो.

फोंडे वटेच्यान येवपी दुचाकी आनी चारचाकी वाहनांक पिंटो गॅरेजीवटेनच्या मैदानाचेर पार्किंग आसतलें. सदची फोंडे-पणजी येरादारी कदंब बायपासान जातली. फोंडेच्यान येवपी अवजड वाहनां बाणस्तारी जक्शनाकडल्यान आमोणा पूल, कारासवाडो मार्गाचो वापर करतली.

ओल्ड गोवा ते चर्च जक्शन (वीजमंत्री श्री. पांडुरंग मडकयकराच्या घरावटेन) रस्तो एकमार्गी आसतलो. दिवाडीच्यान येवपी वाहनांनी वायसरॉय आर्कातल्यान येवन सेंट कॅजेटन चर्चीच्या कोर्टयार्डात पार्क करची. तशेंच फुडें वचपाक आर्च कन्शेप्शनाकडल्यान फोंडे आनी पणजी वटेन वचचें. फोंडेच्यान दिवाडी वचपी वाहनांनी नेवरा जक्शनाकडल्यान उजवेवटेच्यान टर्न घेवन ओल्ड गोवा मुख्य जक्शनाकडल्यान दिवाडी जेटीकडेन वचचे. गवंडाळीच्यान येवन दिवाडी वचपी वाहनांनी श्री. रमेश नायकाच्या घरालागी उजवे वटेन टर्न घेवन फेरीकडेन वचचे. जाल्यार पणजी, रायबंदर, दिवाडी वचपी वाहनांनी ओल्ड गोवा चर्च जक्शनाकडेन डावे वटेच्यान टर्न घेवन सेंट कॅथरीन चॅपेल मार्गान जेटीकडेन वचचे. दिवाडी फेरीतल्यान अवजड वाहनांक प्रवेश आसचो ना. ओल्ड गोवा चर्च जक्शन ते गांधी सर्कल मेरेनचो रस्तो पुलीस, ॲम्बूलन्स फायर ब्रिगेड अशी आपतकालीन वाहनां सोडून सगळ्यां तरेच्या वाहनांखातीर बंद आसतली.